गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>विध्यार्थ्यांक संविधानाची म्हायती करून दिवपाची गरज आसा- मुख्यमंत्री</u>**

ता .२७ नोव्हेंबर २०१९

०६ मार्गशीष १९४१

विध्यार्थ्यांक तांचे हक्क आनी कर्तव्यांची जाणीव करून दिवपा खातीर महाविध्यालयांनी संविधान दीस कार्यावळींचे आयोजन करपाची गरज आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्री डॉ, प्रमोद सावंत हांणी काल सचिवालयात गोंय विधिमंडळ सचिवालयान आयोजीत संविधान दीस कार्यावळीत उलयताना सांगले.

आमचे संविधान भारताचे एक सार्वभौम समाजवादी धर्मनिरपेक्ष लोकशाय गणराज्य घडोवपाचो आनी देशाच्या सगळ्या नागरिकांक समाजीक, अर्थीक आनी राजनितीक न्याय, विचार, अभिव्यक्ती, विस्वास, श्रध्दा आनी उपासना हांचे स्वातंत्र्य, प्रतिशठा आनी संदीची समानताय आदीची खात्री दीता. आमचे संविधान म्हळ्यार एक मोठो ग्रथ जावन आसा आनी देशाच्या नागरिकांक अधिकार आनी कर्तव्यांची जाणीव करून दिता, अशें मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार उलयताना सांगले.

सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हांणी सांगले, की, भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांच्या सन्मानार्थ संविधान दीस मनयतात. देशातल्या सामाजीक, सांस्कृतीक आनी धार्मिक विविधतायेचो विचार आनी अभ्यास करून आमचे संविधान बरयिल्ले आसा, आमच्या संविधानात देशाच्या एकंदर विकासाचेर भर दिल्लो आसून तातूंत देशाच्या विकासा खातीर आवश्यक आशिल्ल्या सगळ्या गजीलींचो आसपाव आसा, अशें तांणी सांगले.

एडव्होकेट जनरल श्री. देविदास पांगम हांणी आमचे संविधान देशाच्या नागरिकांक मुलभूत अधिकार दिवपा वांगडाच तांच्या कर्तव्यांचीय जाणीव करून दिता, अशें सांगले.

संविधान दीस कार्यावळीक मंत्री, आमदार आनी अधिकारी हजर आशिल्ले.

श्रीमती नम्रता उल्मन हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले निमणे श्री. विक्टर गोन्साल्विस हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ८०८

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA